**08.04. 2025** @ 8.40 **am**

आकाशवाणी पणजी

**मुखेल खबरो**

- राष्ट्रपति द्रौपदी मुरमू हांच्या सन्मानार्थ लिस्बनाचे मेयर कार्लोस मॅन्युएल हाणी सिटी की ऑफ ऑनर भेटयली
- नितळ वेपार पद्धतींचे पालन करपी आनी वेवसाय करपाक समान संद दिवपी देशां वांगडा काम करपाक भारत उत्सुक आसा अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें.
- प्रधानमंत्री मुद्रा येवजणे खाला आतां मेरेन 32 लाख कोटी परस चड मोलाचे 52 कोटी परस चड रीण मंजूर जाल्यात.
- आयपीएल टी-20 क्रिकेट खेळांत काल रातीं रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून मुंबय इंडियन्साक 12 धांवड्यांनी हारयले.
- टेनिसांत भारताचो रोहन बोपन्ना आनी ताचो अमेरिकन जोडीदार बेन शेल्टन हांणी फ्रांसांत जावपी मोंटे-कार्लो मास्टर्सच्या दादल्यांच्या दोटटी सर्तीच्या प्री क्वार्टर फायनलींत प्रवेश केला

मुरमू 110

राष्ट्रपति द्रौपदी मुरमू पोर्तुगालच्या भेटीर आसात. ताच्या सन्मानार्थ शाराची चावी भेट दिवपाच्या सुवाळ्यात लिस्बनाचे मेयर कार्लोस मॅन्युएल हाणी सिटी की ऑफ ऑनर राष्ट्रपति द्रौपदी मुरमू हांका भेटयली. लिस्बन शारान दिल्लो हो सगळ्यांत व्हडलो भोवमान.ह्या सुवाळ्यात उलयतना मुरमू हाणी सांगलें की, भारतीय नागरिक पुर्तुगालांतल्या चवथ्या क्रमांकाच्या समाजाचें प्रतिनिधित्व करतात, ते दोनूय संस्कृताये मदलो पूल म्हूण वावुरतात आनी देशाचे अर्थवेवस्थेक योगदान दितात. भारत आनी पोर्तुगाल हांचे मदल्या सांस्कृतीक संबंदाचो प्रभाव आमचे संस्कृताय, सभ्यता आनी योगा सारक्या वेगवेगळे कलेंतल्यान दिसून येता अशें राष्ट्रपती मुरमू हांणी सांगलें. वसुधैव कुटूबकमाच्या मार्गदर्शना खाला आमी 2047 वर्सा विकसीत भारत तयार करपा खातीर शाश्वत संवसारा खातीर वावुरतले, जंय आमी पोर्तुगालाक एक विस्वासपात्र भागीदार म्हणून पळयतात आशे ताणी सांगले

गोयल 50

नितळ वेपार पद्धतींचे पालन करपी आनी वेवसाय करपाक समान संद दिवपी देशां वांगडा काम करपाक भारत उत्सुक आसा अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें. काल सांजवेळा इंडिया ग्लोबल फोरमांत उलयतना

मंत्री गोयल हांणी भारतीय कंपनीं सक्षम आसात आनी नितळ वेपार पद्धतींचे पालन केल्यार आनीक बरी कामगिरी करपाक शकतात अशें नदरेक हाडलें.

कृष्णन 70

तीन वरां भितर 90 टक्के बॅटरी चार्ज करपाची तांक आशिल्ले इलेक्ट्रीक वाहनां खातीर देशी वायरलेस चार्जर बेगीनच प्रत्यक्षात येतले. सीडीएसी आनी व्हीएनआयटी नागपूरचे तंत्रज्ञान व्यावसायिकदृष्ट्या विकसीत करपा खातीर भारतीय कंपनी कडेन हस्तांतरीत केलां. संशोधनाक लागून उद्देगीक सहकार्या वरवीं वास्तविक जगांत उपेग जावंक जाय अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयाचे सचीव एस. कृष्णन हाणी  सांगलें. मेक इन इंडिया आनी आत्मनिर्भर भारताच्या ध्येयांचो प्रसार करपा खातीर पॉवर इलॅक्ट्रॉनिक्सांत स्वदेशीकरणाचेर तांणी भर दिलो.

पाटील 80

धरणाची सुरक्षीतताय फकत अनुपालन म्हणून न्हय तर मानवी सुरक्षीतताय, पर्यावरण यंत्रणा सांबाळप, आनी राष्ट्रीय लवचीकपण हांचे खातीर वचनबद्धताय म्हणून पळोवची अशें जल शक्ति मंत्री सी.आर.पाटील हांणी सांगलें. सगळ्या विशिश्ट धरणाच्या मालकांनी नेमा प्रमाण जागतिक सर्वोत्तम पद्धतींचे पालन करून आनी सुरक्षीत उदकाचो फुडार सुनिश्चीत करपा खातीर प्रगत तंत्रगिन्यानाचो वापर करून फाव तो निधि वाटप करचो हाचेर तांणी भर दिलो. काल नवी दिल्लींत राष्ट्रीय धरण सुरक्षीतताय प्राधिकरणान आयोजीत केल्ल्या "धरण सुरक्षीतताय कायदो, 2021: एकत्रीत धरण सुरक्षीतताय वेवस्थापनाचे दिकेन" ह्या परिसंवादांत ते उलयताले

ट्रुथटेल 100

ट्रुथटेल हॅकथॉनाचो भव्य समारोप नवी दिल्लींत जालो. वर्ल्ड ऑडियोव्हिज्युअल आनी एंटरटेनमेंट समिट - वेव्स २०२५ च्या क्रिएट इन इंडिया चॅलेंजाचो भाग आशिल्ल्या ह्या सर्तींतल्या पयल्या पांच पंगडांक विजेते म्हूण भौमानीत  केले’. विजेत्यांक मार्गदर्शनाची  संद आनी मुखेल तंत्रज्ञान वेवसायिकां कडल्यान इन्क्युबेशन आदार सयत 10 लाख रुपयांचें एकत्रीत रोख इनाम फावो जालो. आकाशवाणी न्यूजा कडेन खासा उलयतना जैतिवंत पंगडां मदलो एक पंगड युनिक्रॉनान  सांगलें की, फाटले चार ते पांच

म्हयने एआय मॉडेल विकसितकरपाक घाले , जें बनावट बातम्या खिणात वळखुपा खातीर साबार ऑडियो, व्हिडियो आनी व्हिडियो डेटा सेटांचेर प्रशिक्षित केल्यात.  आनीक एक जैतिवंत पंगड आल्केमिस्टान सांगलें,की  वेव्सचो भाग जावन देशाचे तरणाटे आनी तंत्रीक शक्ति संवसाराक दाखोवपाची आस्त बाळगता.

शेख 40

दुबईचे युवराज, उपप्रधानमंत्री आनी युएईचे संरक्षण मंत्री शेख हमदान बिन मोहम्मद अल मकतूम आयज दोन दिसांच्या भारत दौऱ्यार नवी दिल्लीत येतले. दुबयचे युवराज म्हणून भारताची  ही ताची पयली अधिकृत भेट आसतली. ताचे वांगडा जायते मंत्री, वरिश्ठ सरकारी अधिकारी, आनी उच्च पांवड्यावेलें वेवसायीक शिश्टमंडळ आसतलें.

मुद्रा 150

प्रधानमंत्री मुद्रा येवजणे खाला आतां मेरेन 32 लाख कोटी परस चड मोलाचे 52 कोटी परस चड रीण मंजूर जाल्यात. बिगर कॉर्पोरेट, बिगर शेतकी ल्हान आनी सूक्ष्म उद्देगांक 10 लाख रुपया मेरेन कोलेटरल मुक्त रीण दिवपा खातीर ही येवजण 2015 वर्सा सुरू केल्ली, जी अर्थीक समावेश सुलभ करपाक आनी उद्देजकांक सक्षम करपाच्या हेतान सुरू केल्ली. हे येवजणे खाला तीन श्रेणीतली रिणा आसा. हातूंत 50 हजार रुपया मेरेन चे शिशु रीण, पांच लाख रुपया मेरेनचे  किशोर रीण आनी 10 लाख रुपया मेरेनचे तरुण रीण आसपावीत आसा. नवी दिल्लींत मिडियाकडे उलयताना  अर्थीक सेवा खात्याचे सचीव एम. नागराजू हणी  म्हणले की मुद्रा रीणांतले 68 टक्के रीण बायलां उद्देजकांनी घेतल्यात, ताका लागून तांचे  अर्थीक स्वातंत्र्य वाडल्या आनी लैंगिक समानतायेक हातभार लागला. हे येवजणेक लागून उपेक्षित गटांमदी आत्मनिर्भरतायेची भावना निर्माण जाल्या, जाका लागून उद्देजकते वरवीं तांचें उदरनिर्वाह तिगोवन दवरपाक मेळ्ळा अशें तांणी मुखार सांगलें. अनुसुचीत जाती, अनुसुचीत जमाती आनी हेर मागास वर्ग उद्देजकांक सगल्या मुद्रा रीणांतल्यान 50 टक्क्यां परस चड रिण मेळ्ळयात.

आयपीएल  110

आयपीएल टी-20 क्रिकेट खेळांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून मुंबय इंडियन्साक 12 धांवड्यांनी हारयले. 222 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाग रतना मुंबय पंगडान 20 ओव्हरींनी 9 गडे वगडावना 209 धांवड्यो केल्यो. आरसीबी खातीर क्रुनाल पांड्या हो स्टँडआउट गोलंदाज आशिल्लो आनी ताणें मॅचीच्या निमाण्या ओव्हरींत तीन विकेटी सयत वट्ट चार विकेटी घेतल्यो. ताचे आदीं पयली फलंदाजी करपाक घाल्या उपरांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून आपल्या 20 ओव्हरींनी पांच गडे वगडावन वट्ट 221 धांवड्यो केल्यो. रजत पाटीदारान फक्त 32 बॉलांनी 64 धांवड्यो केल्यो. पाटीदाराक ताच्या प्रभावी कामगिरी खातीर प्लेयर ऑफ द मॅच मान फाव जालो. आयच्या मॅचींत आयज दनपारां विशाखापत्तनमांत सनरायझर्स हैदराबाद आनी दिल्ली कॅपिटल्स आनी सांजे

# गुवाहाटींत राजस्थान रॉयल्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स आनी चेन्नय सुपर किंग्स मजगती खेल जातलो

टेनिस 60

टेनिसांत भारताचो म्हालगडो खेळाडू रोहन बोपन्ना आनी ताचो अमेरिकन जोडीदार बेन शेल्टन हांणी फ्रांसांत जावपी मोंटे-कार्लो मास्टर्सच्या  दादल्यांच्या दोटटी सर्तींच्या प्री क्वार्टर फायनलींत प्रवेश केला. भारतीय-अमेरिकन जोडयेन काल पयले फेरयेंत आर्जेन्टिनाचो फ्रांसिस्को सेरुंडलो आनी चिलीचो अलेजांद्रो टॅबिलो हांकां 6-3, 7-5 अशा सेटांनी हारयले. आज प्री क्वार्टर फायनलींत 45 वर्सां पिरायेचो बोपण्णा आनी 22 वर्सां पिरायेचो शेल्टन  हांची सिमोन बोलेली आनी आंद्रेया वाव्हासोरी हया इटालियन जोडीआड खेल जातलो  मेळटली.

आयएसएसएफ 60

काल आयएसएसएफ वर्ल्ड कप 2025 ब्युएनोस आयरेसांत आदलो संवसारीक विजेतो रुद्राक्ष बालासाहेब पाटील हांणे दादल्यांच्या 10 मीटर एअर रायफल शूटिंग सर्तींत भांगरा पदक जिखलें. थळावो मार्सेलो ज्युलियन गुटीरेझन 230.1 गूण मेळोवन कांस्य पदक जिखलें. आयएसएसएफ विश्वचषकांत रुद्राक्ष पाटीलाचें हें दुसरें वैयक्तीक भांगरा पदक. तशेंच 2023 वर्साच्या कैरो आवृत्तींत ताणें 10 मीटर एअर रायफलाचें विजेतेपद मेळयले. हाचे वांगडा भारत आतां चीना वांगडा संयुक्तपणान पदकांच्या वळेरेंत आघाडीर आसा,

वेदर 80

भारतीय  हवामान खात्यान आयज राजस्थान, सौराष्ट्र आनी कच्छांतल्या कांय वाठारांनी उष्णतेच्या  ल्हारांचो रेड अलर्ट जारी केला. हवामान खात्यान फुडल्या 2-3 दिसां खातीर हरियाणा, चंडीगढ, अस्तंत मध्य प्रदेश, गुजरात, पंजाब, अस्तंत उत्तर प्रदेश, विदर्भ  आनी उदेंत मध्य प्रदेशांत उष्णतेच्या लाटेची परिस्थितीचो  अदमास दीला. फुडल्या 3 दिसांत वायव्य भारत, मध्य भारत आनी महाराष्ट्रांतल्या जायत्या वाठारांनी कमाल तापमानात २-३ अंश सेल्सिअसन हळूहळू वाढ जातली. आसाम, मेघालय, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ आनी माहे हांगा आयज घोंगयानी  पावस पडपाची शक्यताय आसा असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

पाळणा 120

पाळणा  येवजणे खाला देशभरांत 1,761 आंगनवाडी-  सह-पाळणाघरा कार्यरत आसात अशें सरकारान सांगलां. पाळणा ही केंद्रीय पुरस्कृत येवजण आसा जी स म्हयन्यां ते स वर्सां पिरायेच्या भुरग्यां खातीर सुरक्षीत वातावरणांत दर्जेदार पाळणाघरा दितात . पाळणा येवजण केंद्र आनी राज्य सरकारां मदीं 60:40 गुणोत्तर निधी प्रमाण चालीक लायतात, फकत ईशान्य आनी खाशेल्या वर्गांतल्या राज्यां सोडल्यार, जंय हें प्रमाण 90:10 गुणोत्तर निधी प्रमाण आसा.  पाळणा येवजणे खाला दोन प्रकारचीं डेकेअर सेंटर आसात - स्वतंत्र डेकेअर सेंटर आनी आंगनबाडी-सह-डेकेअर सेंटर अशें बायलां आनी भुरग्यांच्या विकास मंत्रालयान सांगलां. कामगार आनी रोजगार मंत्रालयान प्रसूती फायद्याच्या कायद्यांत दुरुस्ती करून 50 वा चड कर्मचारी आशिल्ल्या सगळ्या आस्थापनांनी पाळणाघरा सुविधा दिवप सक्तीचें केलां. पाळणा खाला सगळ्या आवयंक तांची रोजगार स्थिती  कडे दुर्लक्ष करून डेकेअर सेंटर दितात. तशेंच देशभरांत 1,284 स्वतंत्र डेकेअर सेंटर चलतात अशें मंत्रालयान सांगलां.

आरबीआय 85

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन काल  सावन 3 दिसांची द्विमासिक चलन धोरण पुनरावलोकन बसका सुरू करून मुखेल बेंचमार्क व्याजदर वा रेपो दर थारावपाक सुरवात केली. गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांच्या फुडारपणा खाला स वांगड्यांची चलन धोरण समितीचो निर्णय बुधवारा जाहीर जातलो. ही बसका नव्या अर्थीक वर्साचें पयलें एमपीसी अधिवेशन आसून ती केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025 उपरांत रोखडीच जाल्या, जातूंत येणावळ कर स्लॅब बदलून वापर वाडोवपाचेर भर दिल्लो.

फेब्रुवारींत एमपीसीन रेपो दर 25 बेसिस पॉयंट उणो करून 6.25 टक्क्य केलो. मे 2020 उपरांत ही पयली कपात आनी अडेज वर्सांतली पयली सुदारणा.

----------------